**गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश**

ता. 17 जून 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून स्वातंत्र्य सैनिक भावां-भयणांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "18 जून 1946 ची सांज गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासातलो विसरूंक जायना असो दीस. 1946 वर्सा ह्याच दिसा म्हान राष्ट्रवादी फुडारी आनी ब्रिटीशाआडच्या भारत स्वातंत्र्य चळवळीचे म्हान स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी गोंयच्या लोकांक एकवटान जुलूमशाय पोर्तुगीज परकीय सत्तेआड लडपाचो कळकळीचो उलो मारलो. डॉ. लोहिया खरे म्हळयार आपलो इश्ट डॉ. ज्युलियास मिनेझिस हांच्या असोळणेच्या घरा सुशेग घेवपाखातीर गोंयांत आयिल्लें. पुण, जेन्ना ते गोंयांत पावले आनी तांणी पोर्तुगीज सत्तेची जुलूमशाय आनी गोंयच्या लोकांक मुळावें नागरी हक्क नाकारपाविशीं आयकले तेन्ना ते अस्वस्थ जालें. अशा तरेन गोंय मुक्तीच्या निर्णायक टप्प्याक सुरूवात जाली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें.

आयच्या ह्या दिसा आमी डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी गोंय मुक्तीखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या गोंयच्या आनी हेर राज्यांतल्या सगळयां स्वातंत्र्य सैनिकांक अभिवादन करून आर्गां ओपूया. तशेंच हयात आशिल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांचेप्रती आदर व्यक्त करूया, जांच्या त्यागाक लागून आयज गोंयचे सगळें लोक स्वतंत्रताय भोगतात आनी स्वताच्या भविश्याचो निर्धार करतात.

आयच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार आमी सगळयांनी गोंय राज्यांत शांतीकाय आनी भरभराटी खातीर समर्पित जावपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/422

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji